# स्वच्छ भारत अभियानाचो बसकेत नियाळ

ता. 31 जुलय 2018
9 आषाढ 1940

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी आयतारा राजभवनार आयोजित केल्ल्या बसकेत गोंय राज्यातल्या स्वच्छ भारत अभियानाचो नियाळ घेतलो. भारताच्या प्रधानमंत्र्यानी डॉ. श्रीमती सिन्हा हांची स्वच्छ भारत अभियानाखातीर ब्राण्ड एम्बासेडर म्हुण नेमणूक केल्या.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, बिहारचे नगरविकास आनी घरबांदणीमंत्री श्री. सुरेश शर्मा आनी हेर संबंदीत अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

स्वच्छ भारत अभियान ही एक चळवळ स्वरूपात संबंद देशात चालू आसा आनी हया अभियानाचो बरो परीणाम दिसून आयला. समाजातल्या लोकांमदी नितळसाणेविशी म्हत्वाचो बदल जाल्लो आसा अशें राज्यपालान बसकेत उलयताना सांगले. स्वच्छ भारत अभियानाखातीर नियुक्त केल्ल्या प्रतिनिधीकडल्यान देशाच्या वेगवेगळया वाठारांत चालू आशिल्ल्या वावराचो नियाळ घेवपाखातीर अशा बसकांचे आयोजन करपात येता, अशेंय राज्यपालान सांगले.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी भुरग्यांक ल्हान पिरायेचेर मुल्याधिश्ठीत शिक्षण, येरादारीचे नेम, भलायकी आनी खास करून नितळसाणीचे म्हत्व पटोवन दिवपाची गरज आसा, जेणे करून समाजाच्या सवयीत बदल घडून येतलो, अशें सांगले. निरोगी समाजाखातीर वैयक्तीक नितळसाण म्हत्वाची आसा अशेंय मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी स्वच्छ भारत अभियानाखाला राज्यात 60,000 बायोटॉयलेट बांदपात येतले आनी कोयराच्या वेवस्थापनाखातीर ग्रामपंचायतीक वाडीव निधी दिला, अशें सांगले. भौशिक जाग्यांचेर नितळसाण राखपाखातीर नियम कडक करपाची तशेंच गायक आनी हेर कलाकारांनी स्वच्छ भारत अभियानाच्या कार्यक्रमाक योगदान दिवचे अशेंय तांणी सांगले.

बिहारचो नगर विकास आनी घरबांदणीमंत्री श्री. सुरेश शर्मा हांणी बिहारात कोयरापासून सारे कशें तयार करपात येता तशेंच रस्ते बांदपाखातीर रेवेच्या जाग्यार घनरूप कोयराचो कसो वापर जाता हे विशी म्हायती दिली.

बसकेत देशातल्या सात वेगवेगळया राज्यातल्या प्रतिनिधीनी स्वच्छ भारत अभियानाखाला भौशिक जागे, विमानतळ, बसस्टँण्ड, रेल्वे स्टेशन, महामार्ग, सरकारी संस्था आनी हेर वाठारात अंमलबजावणी केल्ल्या उपक्रमांची माहिती दिली. सफाई कर्मचा-याक पुरस्कार दिवन कश्टाचे काम करप्याक आदर दिवपाचोय बसकेत थारायले. तशेच नितळसाण मोहिमेखातीर प्रत्येक नागरीकान कमीत कमी दोन वरां आनी वर्साक 100 वरा आपसेवा दिवपाक प्रोत्साहन दिवपाचे थारायले.

निमाणे राज्यपालान बसकेत सहभागी जाल्ल्या सगळया प्रतिनिधीक 2 ऑक्टोबर 2018 गांधी जयंती सावन सुरू जावपी फुडल्या एका वर्साखातीर स्वच्छ भारत अभियानाखातीर कृती आराखडो तयार करपाक सांगले.

बसकेक नियुक्त एम्बासेडर, शिक्षण संस्था, आपवावुरपी संस्था, हॉटेल्स, उद्‌देग, माध्यमा, रियल इस्टेट, हॉस्पिटल, धार्मिक संस्था, आपमदत गट, पेट्रोल पंप आनी हेर संस्था आनी आस्थापनांचे प्रतिनिधी हजर आशिल्ले.